# <u>सैन्य भरती रॅली</u>

पणजीः ता. ३० ऑक्टोबर २०१८
कार्तिक ८, १९४०

कोल्हापूर-महाराष्ट्र हांगा ता. ६ ते १६ डिसेंबर २०१८ मेरेन सैन्य भरती रॅली आयोजीत करपात येतली. जनरल ड्यूटी, लिपीक, स्टोअर किपर टॅक्निकल, सैनिक टॅक्नीकल ऍवियेशन/ऍम्यूनिशन, सैनिक कारागीर, धार्मिक शिक्षक आनी हवालदार ह्या पदांची भरती जातली. ही रॅली महाराष्ट्रांतल्या स जिल्ल्या खातीर आसतली ते म्हळयार सातारा, सांगली, सोलापूर, सिंधुदुर्ग, कोल्हापूर आनी रत्नागिरी आनी उत्तर गोंय आनी दक्षिण गोंय जिल्ल्या खातीर लागू जातली.

अर्जदारान भारतीय सैन्यांच्या www.joinindianarmy.nic.in ह्या संकेत थळाचेर ७ ऑक्टोबर २०१८ ते२० नोव्हेंबर २०१८ मेरेन ऑनलायन नोंदणी आनी अर्ज करचे. ऑनलायन नोंदणी केल्ल्या उमेदवारांची प्रवेश पत्रिका २१ नोव्हेंबर २०१८ उपरांत तांच्या ई-मेलांचेर धाडटले. अर्ज करचें पयलीं उमेदवारांनी आपली शिक्षणीक पात्रताय तपासून पळोवंचे असो सल्लो दिलां.

**मा/वाप/टीएसएस/विगां/माधा/बिंभ/**२०१८/१७२१